# गोवा कोंकणी अकादेमीचे
## कोंकणी साहित्य–भाशा सेवा पुरस्कार
## 2018, 2019, 2020, 2021

## नेमावळ

**येवजणेचो उद्देश**

1. कोंकणी साहित्याची सेवा करपी लेखकांच्या साहित्यकृतींक पुरस्कार भेटोवन तांकां अदीक साहित्य बरोवपाक उत्तेजन दिवप.
2. कोंकणी भाशेच्या वेग वेगळ्या विभागांनी दखल घेवपा इतली सेवा केल्ल्या युवकांक पुरस्कार भेटोवन तांकां अदीक वावर करपाक उत्तेजन दिवप.
3. जिवितभर कोंकणी भाशे खातीर साहित्य, संघटन, संगीत, नाट्य, लोककला, शिक्षण अशा मळांचेर योगदान दिल्ल्या व्यक्तींचो पुरस्कार भेटोवन भोवमान करप.
4. कोंकणी खातीर वावुरपी कोंकणी सेवा संस्थेक पुरस्कार भेटोवन तिचो भोवमान करप.

- दर वर्सा खातीर पुरस्कार दोन विभागांनी आसतलेः
  1. कोंकणी साहित्य/ग्रंथ पुरस्कार
  2. कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार

**पुरस्कारांचे सर्वसादारण नेम**

- पुरस्कार (i) 2018, (ii) 2019, (iii) 2020, (iv) 2021 अश्या चार वर्सा खातीर भेटयतले आनी ताचो कालावधी दर वर्सा आदल्या तीन वर्सांचोआसतलो.

देखीक –

अ) 2018 वर्सा खातीर 01 जानेवारी 2015 ते 31 डिसेंबर 2017
आ) 2019 वर्सा खातीर 01 जानेवारी 2016 ते 31 डिसेंबर 2018
इ) 2020 वर्सा खातीर 01 जानेवारी 2017 ते 31 डिसेंबर 2019
ई) 2021 वर्सा खातीर 01 जानेवारी 2018 ते 31 डिसेंबर 2020
ह्या काळांत उजवाडा आयिल्ली पुस्तकां.

हे पुरस्कार (i) 2018, (ii) 2019, (iii) 2020, (iv) 2021 अश्या चार वर्सा खातीर आसतले.

- साहित्य प्रतिभा पुरस्कार, साहित्य प्रज्ञा पुरस्कार, शणै गोंयबाब कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार, माधव मंजुनाथ कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार आनी कोंकणी कला सेवा पुरस्कार. ह्या पुरस्कारांक गोवा कोंकणी अकादेमी जीवन गौरव पुरस्कार मानतली. हे पुरस्कार पिरायेचीं 50 वर्सां हुपिल्ल्या व्यक्तींकूच भेटयतली.

- गोवा कोंकणी अकादेमीचे पुरस्कार, अकादेमीचे अध्यक्ष, उपाध्यक्ष, सचीव, कार्यकारी मंडळाचे वांगडी सोडून हेरांक भेटयतले. गोवा कोंकणी अकादेमीच्या अधिकारी / कर्मचारी वर्गाक तांचो लाब मेळूं येता.

- अकादेमीचे जीवन गौरव पुरस्कार फावो जाता ते व्यक्तीक आदीं अकादेमीचे साहित्य पुरस्कार आनी / वा युवा पुरस्कार लाबिल्ले आसूं येतात.

- केंद्रीय साहित्य अकादेमीचो (मुखेल) पुरस्कार फावो जाल्ल्या व्यक्तीक गोवा कोंकणी अकादेमीचो खंयचोच साहित्य / ग्रंथ पुरस्कार फावो जावचो ना.

  पूण, ज्या व्यक्तीक केंद्रीय साहित्य अकादेमीचो अणकार इनाम फावो जाला ताका गोवा कोंकणी अकादेमीचो अणकार साहित्य सोडून हेर पुरस्कार मेळूं येता.

  तशेच ज्या व्यक्तीक केंद्रीय अकादेमीचो बालसाहित्य पुरस्कार फावो जाला ताका गोवा कोंकणी अकादेमीचो बालसाहित्य पुरस्कार सोडून हेर पुरस्कार मेळूं येता.

  पूण, ज्या व्यक्तीक केंद्रीय साहित्य अकादेमीचो युवा साहित्य पुरस्कार फावो जाला ताका गोवा कोंकणी अकादेमीचो युवा चैतन्य पुरस्कार मेळूं येता.

- साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार मेळिल्ली व्यक्ती अकादेमीच्या जीवन गौरव पुरस्कारांची मानकरी थारपाक शकता.
- गोवा कोंकणी अकादेमीचो खंयचोय पुरस्कार मरणोत्तर दिवचे नात, मात जे व्यक्तीक तो फावो जाता, ती व्यक्ती पुरस्कार घोशीत जाला त्या काळांत हयात आसल्यार आनी पुरस्कार भेटवणे आदीं संवसाराक अंतरिल्ली आसल्यार तिका मरणोत्तर पुरस्कार मेळूं येता.
- लिखीत हयकार दिवनय पुरस्कार घेवंक नकार दिलो जाल्यार तेच वळेरेंतले दुसरे नंबरचे व्यक्तीक तो दिवूं येता.
- एखाद्या विभागांत पुरस्कारा खातीर शिफारस केल्लीं सगळीं पुस्तकां अपात्र थारयलीं जाल्यार परिक्षकांचो निर्णय अंतिम धरुन अकादेमी पुरस्कार दिवची ना.
- गोवा कोंकणी अकादेमीचो जीवन गौरव पुरस्कार लाबिल्ले व्यक्तीक त्या वर्सा वा उपरांत गोवा कोंकणी अकादेमीच्या हेर पुरस्काराखातीर विचार जावचो ना.
- 2018, 2019, 2020, 2021 ह्या चार वर्साच्या पुरस्कारा खातीर अकादेमीन थारिल्ल्या नमुन्यांत लेखक / प्रकाशक / हेर व्यक्तीं कडल्यान पुरस्कारा खातीर अर्ज / शिफारशी मागयतली.
- अर्ज / शिफारशी मागोवपा खातीर थळाव्या वर्तमान पत्रांतल्यान आवाहन करतले.
- साहित्य आनी जीवन गौरव पुरस्कारांची निवड करूंक अकादेमी परिक्षकांची निवड समिती / समित्यो घडयतली. साहित्य / ग्रंथ पुरस्काराच्या दरेका प्रकारा खातीर वेग वेगळ्यो निवड समिती आसतल्यो.
- ह्यो समिती 2018, 2019, 2020 आनी 2021 वर्सांच्या पुरस्कारांखातीर आयिल्ल्या अर्ज आनी शिफारशींतल्यान त्या त्या वर्साच्या पुरस्कारां खातीर नांवांची निवड करतली. ह्या अर्ज आनी शिफारशी भायर समितीक दिसलें जाल्यार हेर नांवांचोय समिती विचार करतली.

- चारुय वर्सांचे पुरस्कार ह्याच वर्सा दिवपाचे आशिल्ल्यान दर वर्साची निवड समिती त्या त्या वर्साचो निर्णय तयार करतली. एका वर्साचो निकाल जाहीर जाले उपरांत फुडल्या वर्सांचे निकाल थाराविक कालखंडात जाहीर करतली.

  2018, 2019, 2020 आनी 2021 ह्या वर्साखातीरच्या पुरस्कांराखातीर दोन समित्यो आनी भाशा सेवा पुरस्कारां खातीर चारुय वर्सा खातीर एक समिती निवड करतली.

- खासा आपयिल्ले वावुरपी मंडळाचे बसकेंत संबंदीत पुरस्कार विजेत्याचो हयकार घेतल्या उपरांत अकादेमी पुरस्कार घोशीत करतली.

- हे पूरस्कार चार वर्सांखातीर आशिल्यान त्या त्या वर्साप्रमाणे तशेंच पुरस्काराच्या प्रकाराप्रमाणे वेगवेगळीं अर्जीपत्रां भरुन दिवची पडटली.

- दर वर्साखातीर वेगवेगळ्या अर्जीपत्राचे नमुने आनी ही नेमावळ पुस्तीका konkaniakademi.goa.gov.in ह्या अकादेमीच्या वेबसायटीचेर मेळटात.

**2018, 2019, 2020, 2021 ह्या चारुय वर्सांच्या सगळ्या साहित्य आनी भाशा सेवा पुरस्कारां खातीर थारिल्ल्या नमुन्यांत अर्ज/शिफारशी स्विकारपाची निमाणी तारीख आसा 08/01/2024**

## विभाग: पयलो

## कोंकणी साहित्य पुरस्कार

### 1. सर्वोत्कृश्ट साहित्य / ग्रंथ पुरस्कार

- दरेका विभागांत रू. 25,000 / — चे आठ पुरस्कार आसतले.

**अटी आनी नेम :**

1.
   अ) 2018 वर्सा च्या पुरस्कारा खातीर ( 1 जानेवारी 2015 ते 31 डिसेंबर 2017)
   आ) 2019 वर्सा खातीर (1 जानेवारी 2016 ते 31 डिसेंबर 2018)
   इ) 2020 वर्सा खातीर (1 जानेवारी 2017 ते 31 डिसेंबर 2019)
   ई) 2021 वर्सा खातीर (1 जानेवारी 2018 ते 31 डिसेंबर 2020)
   ह्या काळांत उजवाडाक आयिल्लीं पुस्तकां.
2. पुरस्कार नागरी आनी रोमी लिपयेंतल्या पुस्तकां खातीर आसतले.
3. दरेका साहित्य पुरस्काराची रक्कम रू. 25,000 / — आसतली आनी रक्कमे बरोबर मानचिन्न, सन्मान पत्र, शाल आनी श्रीफळ भेटयतले.
4. पुरस्कारा खातीर धाडिल्लें / शिफारस केल्लें पुस्तक मौलीक (मूळ, निजाचें) स्वरूपाचें आसचें पडटलें. पुरस्कार एकूण आठ विभागांत, साहित्य प्रकारा प्रमाण आसतले.

I. **कविता** — (कविता, गीत आनी कांतार आदि संग्रहाच्या पुस्तकाचीं उण्यांत उणीं 80 पानां मजकूर आसूंक जाय).

II. **कथा / कादंबरी** — (कथा संग्रहाच्या पुस्तकाचीं उण्यांत उणीं 120 पानां मजकूर आनी कादंबरेचीं उण्यांत उणीं 150 पानांचो मजकूर आसूंक जाय.)

III. **नाट्य—लेखन** — (नाटक, तियात्र, एकांकी संग्रह पुस्तकाचीं उण्यांत उणीं 65 पानां साहित्याचो मजकूर आसूंक जाय.)

IV. **निबंद / प्रवासवर्णन** – आदि (पुस्तकाचीं उण्यांत उणीं 120 पानां आसूंक जाय.)

V. **संशोधन / शास्त्रीय**–(पुस्तकाचीं उण्यांत उणीं 100 पानां आसूंक जाय.)

VI. **समिक्षा**– (पुस्तकाचीं उण्यांत उणीं 120 पानां आसूंक जाय.)

VII. **बालसाहित्य**– (ललीत आनी ललितेतर. पुस्तकाचीं उण्यांत उणीं 40 पानां आसूंक जाय.)

VIII. **अणकार**–(पुस्तकाचीं उण्यांत उणीं 50 पानां आसूंक जाय.) अणकार केल्ल्या मूळ पुस्तकाचें स्वरूप मौलीक, ललित, ललितेतर, संशोधनात्मक, समिक्षात्मक आसूंक जाय. मूळ लेखकाची रीतसर मान्यताय घेतिल्ली आसूंक जाय.

5. जायरातींचो आसपाव आशिल्ल्या पुस्तकांचो पुरस्कारा खातीर विचार जावचो ना.

6. केंद्रीय साहित्य अकादेमी पुरस्कार, सॅमसंग रवीन्द्रनाथ टागोर साहित्य अकादेमी पुरस्कार, ज्ञानपीठ पुरस्कार, सरस्वती सन्मान (बिर्ला फावंडेशन), गोमंत शारदा पुरस्कार (कला अकादमी) ह्या पुरस्कार जैतिवंतांक ह्या पुरस्कारांचो लाब मेळचोना.

7. एक लेखक गोवा कोंकणी अकादेमीच्या चडांत चड दोन साहित्य पुरस्काराचो मानकरी थंरु येता.

8. पुरस्काराचे मुजतींत प्रकाशीत जाल्ल्या पुस्तकांची वळेरी (Ground list) अकादेमी कोंकणी साहित्याचे साक्षेपी वाचक / जाणकार हांचे कडल्यान तयार करून घेतली. त्या भायर शिफारशीय मागयतली. ही वळेरी आनी आयिल्ले अर्ज / शिफारशी अकादेमी निवड समिती मुखार दवरतली. त्याभायर गरज पडल्यार आनी समितीच्या वांगड्यांक दिसल्यार नेमांत बसपी हेर खंयच्याय पुस्तकाचो विचार पुरस्कारा खातीर समितीन करूं येता.

## 2. सर्वोत्कृश्ट साहित्य/ग्रंथ पुरस्कार (गोंयां भायल्या कोंकणी लेखका खातीर)

- पुरस्काराची रक्कम रू. 25,000/–, मानचिन्न, सन्मानपत्र, शाल आनी श्रीफळ अशें पुरस्काराचें स्वरूप आसतलें.

**अटी आनी नेम :**

1. ह्या विभागांत एकूच पुरस्कार आसतलो.
2. पुरस्कार नागरी लिपींतल्या पुस्तका खातीर आसतलो.
3. लेखक गोंयां भायर रावून साहित्य सेवा करपी आसूंक जाय.
4. पुरस्कारा खातीर कविता, कथा–कादंबरी, नाटक, निबंद, प्रवासवर्णन, तशेंच संशोधन, शास्त्रीय, समीक्षा वो हेर कसल्याय प्रकाराच्या मौलीक पुस्तकाचो विचार जातलो.
5. सर्वोत्कृश्ट साहित्य/ग्रंथ पुरस्कारांक ज्यो अटी आनी नेम लागू जातात, ते ह्याय पुरस्काराक लागू जातले.

## 3. साहित्य प्रतिभा पुरस्कार

- रोख रक्कम रू. 50,000/– मानचिन्न, सन्मानपत्र, शाल आनी श्रीफळ अशें पुरस्काराचें स्वरूप आसतलें.

**अटी आनी नेम :**

1. कोंकणी साहित्याच्या मळाचेर मोलादीक योगदान दिल्ल्या आनी पिरायेचीं पन्नास वर्सां हुपिल्ल्या ललित लेखका खातीर हो जीवन गौरव पुरस्कार आसा.
2. अकादेमीच्या पुरस्कारांचे सर्वसादारण नेम ह्या पुरस्काराक लागू जातले.
3. त्या त्या वर्साचो पुरस्कार, त्या वर्सा नेमिल्ली निवड समिती वेंचून काडटली. ताचे आदीं अकादेमी व्यक्ती आनी संस्थां कडल्यान पुरस्कारा खातीर शिफारसपत्रां मागयतली.

### 4. साहित्य प्रज्ञा पुरस्कार

- रोख रक्कम रू. 50,000/- मानचिन्न, सन्मानपत्र, शाल आनी श्रीफळ अशें पुरस्कारांचें स्वरूप आसतलें.

**अटी आनी नेम :**

1. कोंकणी भाशा, ललितेतर साहित्य ह्या मळांचेर मोलादीक योगदान दिल्ल्या आनी पिरायेचीं पन्नास वर्सां हुपिल्ल्या भाशाशास्त्री, संस्कृती संशोधक, व्याकरणकार, कोशकार, लोकवेदकार हांकां हो जीवन गौरव पुरस्कार भेटयतले.
2. अकादेमीच्या पुरस्कारांचे सर्वसादारण नेम ह्या पुरस्काराक लागू जातले.
3. पुरस्काराची निवड प्रक्रिया साहित्य प्रतिभा पुरस्कारा सारखीच आसतली.

## विभाग : दुसरो

### कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार

### 1. युवा चैतन्य पुरस्कार

- दरेकी 25,000/– रोख रक्कम, मानचिन्न, सन्मानपत्र, शाल आनी श्रीफळ अशें पुरस्कारांचें स्वरूप आसतलें.

**अटी आनी नेम :**

1. कोंकणी भाशा, साहित्य आनी कला ह्या मळांचेर वावुरपी युवकां खातीर हे पुरस्कार आसात. एके व्यक्तीक एकदांच हो पुरस्कार मेळटलो.
2. अकादेमीच्या पुरस्कारांचे सर्वसादारण नेम ह्या पुरस्काराक लागू जातले.
3. युवा वावुरप्यांची पिराय चाळीस वर्सां मेरेन आसपाक जाय. (निवड समितीक गरज भासल्यार ही अट शिथील करतले.)
4. व्यक्तिगत पावंड्यार वा संस्थेच्या आदारान कोंकणी भास, साहित्य, संगीत, नाटक, शिक्षण, संशोधन, संस्कृताय ह्या मळांचेर योगदान दिल्ल्या तशेंच कोंकणी भाशा/साहित्य चळवळींत संघटन कसब दाखयिल्ल्या उमेदवारांचो पुरस्कारा खातीर विचार जातलो.
5. त्या वर्साचे पुरस्कार, त्या वर्सा नेमिल्ली निवड समिती वेंचून काडटली. निवड समितींत उण्यांत उणो एक परिक्षक आदलो युवा चैतन्य पुरस्कार जैतिवंत आसतलो. ताचे आदीं व्यक्ती आनी संस्थांकडल्यान नांवांची शिफारस मागयतले.
6. युवा वावुरप्यांक गोवा कोंकणी अकादेमीचे साहित्य पुरस्कार लाबिल्ले आसूं येतात.

## 2. कोंकणी प्रसार–माध्यम कला–कौशल्य पुरस्कार

- रोख रक्कम 25,000/–, मानचिन्न, सन्मानपत्र, शाल आनी श्रीफळ अशें पुरस्काराचें स्वरूप आसतलें.

**अटी आनी नेम :**

1. नेमाळीं, दिसाळें ह्या छापील माध्यमांतल्यान कोंकणींतल्यान लिखाण करपी तशेंच इलेक्ट्रॉनीक माध्यमांतल्यान आपणालें कला–कसब दाखोवन कोंकणीची सेवा करपी व्यक्ती खातीर हो पुरस्कार आसा.
2. अकादेमीच्या पुरस्कारांचे सर्वसादारण नेम ह्या पुरस्काराक लागू जातले.
3. छापील प्रसार माध्यमांत वावुरपी–संपादक, स्तंभलेखक, पत्रकार तशेंच इलेक्ट्रॉनीक प्रसारमाध्यमांत वावुरपी संपादक, निर्देशक, संचालक, निवेदक, पटकथा/संहिता लेखक आदींचो ह्या पुरस्कारा खातीर विचार जातलो.
4. पुरस्कारा खातीर पिरायेची अट ना.
5. हो पुरस्कार छापील आनी दृक–श्राव्य माध्यमांत वावुरप्यां खातीर प्राधान्यक्रमान आसा.

## 3. शणै गोंयबाब कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार

- रोख रक्कम रू. 50,000/– मानचिन्न, सन्मानपत्र, शाल आनी श्रीफळ अशें पुरस्काराचें स्वरूप आसतलें.

**अटी आनी नेम :**

1. कोंकणी भाशा, साहित्य आनी कला ह्या मळांचेर पिरायेची पन्नासी हुपिल्ल्या आनी भौशीक जिणेंत मोलादीक योगदान दिल्ल्या जेश्ट कोंकणी वावुरप्यां खातीर/फुडाऱ्यां खातीर हो जीवन गौरव पुरस्कार आसा.
2. अकादेमीच्या पुरस्कारांचे सर्वसादारण नेम ह्या पुरस्काराक लागू जातले.

3. पुरस्काराची व्याप्ती गोंय राज्या पुरती मर्यादीत आसा.
4. पुरस्काराची निवड प्रतिभा आनी प्रज्ञा पुरस्काराचेच पद्धतीची आसतली.

## 4. माधव मंजुनाथ कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार

- रोख रक्कम रू. 50,000/– मानचिन्न, सन्मानपत्र, शाल आनी श्रीफळ अशें पुरस्काराचें स्वरूप आसतलें.

**अटी आनी नेम :**

1. कोंकणी भाशा, साहित्य आनी कला ह्या मळांचेर गोंय, महाराष्ट्र, कर्नाटक, केरळ तशेंच हेर राज्यांनी वावुरपी कार्यकर्तो /फुडारी/संघटक अशे पिरायेची पन्नाशी हुपिल्ले व्यक्ती खातीर हो जीवन गौरव पुरस्कार आसा.
2. अकादेमीच्या पुरस्कारांचे सर्वसादारण नेम ह्या पुरस्काराक लागू जातले.
3. हो पुरस्कार फावो जाल्ले व्यक्तीक आदीं गोवा कोंकणी अकादेमीचे साहित्य पुरस्कार, युवा पुरस्कार लाबिल्ले आसूं येतात.
4. पुरस्काराची निवड प्रक्रिया शणै गोंयबाब सेवा पुरस्काराचेच पद्धतीची आसतली.

## 5. कोंकणी कला सेवा पुरस्कार

- रोख रक्कम रू. 50,000/– मानचिन्न, सन्मानपत्र, श्रीफळ आनी शाल अशें पुरस्काराचें स्वरूप आसतलें.

**अटी आनी नेम :**

1. कोंकणी लोकनाट्य, लोकसंगीत, संगीत निर्देशन, गायन, सिने–नाट्य दिग्दर्शन, सिने–नाट्यअभिनय आदि कला–क्षेत्रांत पिरायेची पन्नाशी हुपिल्ल्या आनी भौशीक जिणेंत मोलादीक योगदान दिल्ल्या ज्येश्ट कोंकणी कलाकारा खातीर हो जीवन गौरव पुरस्कार आसा.

2. अकादेमीच्या पुरस्कारांचे सर्वसादारण नेम ह्या पुरस्काराक लागू जातले.
3. पुरस्काराची निवड प्रक्रिया हेर जीवन गौरव पुरस्कारां सारखीच आसतली.

## 6. कोंकणी सेवा संस्था पुरस्कार

- रोख रक्कम रू. 50,000/— मानचिन्न, सन्मानपत्र, श्रीफळ अशें पुरस्काराचें स्वरूप आसतलें.

**अटी आनी नेम :**

1. हो पुरस्कार, उण्यांत उणीं धा वर्सां कोंकणी भाशा, साहित्य आनी कला ह्या मळांचेर लक्षणीय सेवा करपी संस्थे खातीर आसा.
2. अकादेमीच्या पुरस्कारांचे सर्वसादारण नेम ह्या पुरस्काराक लागू जातले.
3. एके संस्थेक एकदांच हो पुरस्कार लाबतलो.
4. संस्थेचे वतीन अध्यक्ष, उपाध्यक्ष, सचीव वा संस्थेन नेमिल्लो प्रतिनिधी पुरस्काराचो स्विकार करतलो.
5. हो पुरस्कार गोंय वा हेर राज्यांतल्या सेवा संस्थाखातीर आसा. ज्या संस्थांची नोंद '' सोसायटी रजिस्ट्रेशन ॲक्ट 1860'' खाला जाल्या, त्या संस्थांचो ह्या पुरस्कारा खातीर प्राधान्यक्रमान विचार जातलो.
6. अर्जदार संस्थेन संस्थेच्या वावराचो अहवाल धाडचो पडटलो.

✦ ✦ ✦

## गोवा कोंकणी अकादेमी
## कोंकणी साहित्य आनी भाशा सेवा पुरस्कार

**2008**

1. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य/ग्रंथ पुरस्कार**
   भूंयफोड (कविता) – श्रीमती ग्वादालूप डायस
2. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य/ग्रंथ पुरस्कार**
   धर्तरेचो स्पर्श (कथा) – श्री. तुकाराम रामा शेट
3. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य/ग्रंथ पुरस्कार**
   संघर्श (एकांकी) – श्री. मार्कुस गोन्सालवीस
4. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य/ग्रंथ पुरस्कार**
   दवरणें (निबंद) – श्री. प्रकाश पर्येकार
5. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य/ग्रंथ पुरस्कार**
   नादब्रह्म (शास्त्रीय) – श्रीमती शकुंतला भरणे
6. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य/ग्रंथ पुरस्कार**
   सवणें उडटना (बालसाहित्य) – बाय स्नेहा संजीव वेरेंकार
7. **युवा चैतन्य पुरस्कार** – श्री. पुर्णानंद च्यारी
8. **युवा चैतन्य पुरस्कार** – श्री. लुईस अँथनी रॉड्रीग्स
9. **साहित्य प्रतिभा पुरस्कार** – श्री. रवीन्द्र केळेकार
10. **साहित्य प्रज्ञा पुरस्कार** – डॉ. मॅथ्यू आल्मेदा एस. जे.
11. **शणै गोंयबाब कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार**
    – एड. उदय भेंब्रे (परत केलो–2011)
12. **माधव मंजुनाथ शानभाग कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार** – श्री. के. के. पै., मणिपाल
13. **कोंकणी सेवा संस्था पुरस्कार** – कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय

## 2009

1. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य/ग्रंथ पुरस्कार**
   ब्लॅक (कविता) – श्री. निलबा खांडेकार
2. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य/ग्रंथ पुरस्कार**
   उतळजीण (कथा) – श्री. रामनाथ गावडे
3. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य/ग्रंथ पुरस्कार**
   आमचो हात जगन्नाथ (नाटक) – श्री. राजयपवार
4. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य/ग्रंथ पुरस्कार**
   हंसध्वनी (निबंद) – श्री. मुकेश थळी
5. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य/ग्रंथ पुरस्कार**
   क्ष : समिक्षेंतलो (समीक्षा) – डॉ. बालकृष्णजी कानोळकार
6. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य/ग्रंथ पुरस्कार**
   वर्स फुकट वचूंक ना ! (बालसाहित्य) – श्री. गजानन जोग
7. **युवा चैतन्य पुरस्कार** – श्री. आग्नेल (द बोरी) फेर्नांडीस
8. **युवा चैतन्य पुरस्कार** – श्री. राजदीप नायक
9. **साहित्य प्रतिभा पुरस्कार** – श्री. नागेश करमली
10. **साहित्य प्रज्ञा पुरस्कार** – श्री. सुरेश जयवंत बोरकार
11. **शणै गोंयबाब कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार**
    – श्री. बाबली नायक
12. **माधव मंजुनाथ शानभाग कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार**
    – श्री. जे. बी. मोरायस, मुंबय
13. **कोंकणी सेवा संस्था पुरस्कार** – कोंकणी कला आनी साहित्य केंद्र, कुडचडें

## 2010

1. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य / ग्रंथ पुरस्कार**
   उत्सव (कविता) – श्रीमती मंगला कारापुरकार
2. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य / ग्रंथ पुरस्कार**
   मृगजळ (कथा) – श्रीमती माया खरंगटे
3. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य / ग्रंथ पुरस्कार**
   कुंवाडीं (नाटक) – श्री. हनुमंत चोपडेकार
4. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य / ग्रंथ पुरस्कार**
   जिणेची वाट (निबंद) – जॉन एम्. आन्फोन्सो – कार्मेलायट
5. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य / ग्रंथ पुरस्कार**
   तबलें (शास्त्रीय) – श्री. श्रीधर केशव बर्वे
6. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य / ग्रंथ पुरस्कार**
   गिरमीट (बालसाहित्य) – श्रीमती रत्नमाला दिवकार
7. **युवा चैतन्य पुरस्कार** –श्रीमती स्वाती नायक
8. **युवा चैतन्य पुरस्कार** –श्री. कॉज्मा फेर्नांडीस
9. **साहित्य प्रतिभा पुरस्कार** – श्री. रमेश वेळुस्कार
10. **साहित्य प्रज्ञा पुरस्कार** – डॉ. तानाजी हळर्णकार
11. **शणै गोंयबाब कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार**
    – श्री. सुहास दलाल
12. **माधव मंजुनाथ शानभाग कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार**
    – श्री. एन. पुरूषोत्तम मल्ल्या, केरळ
13. **कोंकणी सेवा संस्था पुरस्कार** – बार्देश कोंकणी अस्मिताय केंद्र, म्हापशें

## 2011

1. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य / ग्रंथ पुरस्कार**
   स्पंदन (कथा) – श्रीमती नयना आडारकार
2. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य / ग्रंथ पुरस्कार**
   गे माये (एकांकी) – श्री. उल्हास यशवंत नायक
3. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य / ग्रंथ पुरस्कार**
   मुक्तमन (निबंद) – श्रीमती नमन धावस्कर सावंत
4. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य / ग्रंथ पुरस्कार**
   110 वखदी वनस्पती (संशोधन) – डॉ. अर्चना गांवकार
5. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य / ग्रंथ पुरस्कार**
   काणी एका सुण्याची (बालसाहित्य) – श्रीमती सुधा खरंगटे
6. **युवा चैतन्य पुरस्कार** – श्री. गौरीश वेर्णेकार
7. **युवा चैतन्य पुरस्कार** – श्री. अनंत अग्नी (नाकारलो)
8. **साहित्य प्रज्ञा पुरस्कार** – श्री. पुंडलीक नायक (नाकारलो)
9. **साहित्य प्रतिभा पुरस्कार** – डॉ. रॉकी मिरांडा
10. **शणै गोंयबाब कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार**
    – श्री. सोतेर बार्रेत
11. **माधव मंजुनाथ शानभाग कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार**
    – श्री. बस्ती वामन शणै, मंगळूर
12. **कोंकणी सेवा संस्था पुरस्कार** – कोंकणी सेवा केंद्र, सांखळी

## 2012

1. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य / ग्रंथ पुरस्कार**
   शुभंकर (कविता) – श्री. परेश नरेंद्र कामत
2. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य / ग्रंथ पुरस्कार**
   तळाचो फातर (कादंबरी) – श्री. रामनाथ गावडे
3. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य / ग्रंथ पुरस्कार**
   राजकुंवर शेणला (एकांकी संग्रह) – श्री. कविंद्र व्यंकटेश फळदेसाय
4. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य / ग्रंथ पुरस्कार**
   कोडू कसाय गोड गुळी (निबंद) – डॉ. मधुसुदन पुरूषोत्तम जोशी
5. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य / ग्रंथ पुरस्कार**
   अक्षर सरिता (समीक्षा) – डॉ. किरण बुडकुले
6. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य / ग्रंथ पुरस्कार**
   एक आसली आजी (बालसाहित्य) – श्रीमती माया खरंगटे
7. **गोंया भायल्या लेखकाक साहित्य पुरस्कार**
   संकल्प (कविता) – श्रीमती इंदू अशोक गेरसप्पे, कर्नाटक
8. **युवा चैतन्य पुरस्कार** – श्री. गोपीनाथ गांवस
9. **युवा चैतन्य पुरस्कार** – डॉ. सोनिया सिरसाट
10. **साहित्य प्रतिभा पुरस्कार** – श्री. दामोदर मावजो
11. **साहित्य प्रज्ञा पुरस्कार** – श्री. नागेश सोंदे
12. **शणै गोंयबाब कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार**
    – श्री. आंतोन द पीयेदाद मोराईस
13. **माधव मंजुनाथ शानभाग कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार**
    – फा. मार्क वाल्डर, कर्नाटक
14. **कोंकणी सेवा संस्था पुरस्कार** – अंत्रुज लळितक, नागेशी– बांदोडें– फोंडें

## 2013

1. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य / ग्रंथ पुरस्कार**
   घोले घोले (कविता) – श्री. गोपीनाथ गांवस
2. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य / ग्रंथ पुरस्कार**
   बावरी राधिका (कथा) – श्री. अजय ज्यो. बुवा
3. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य / ग्रंथ पुरस्कार**
   महारथी कर्ण (नाटक) – डॉ. रेवणसिध्द नायक
4. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य / ग्रंथ पुरस्कार**
   ज्वालामुखी (निबंद) – श्रीमती ग्वादालूप डायस
5. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य / ग्रंथ पुरस्कार**
   म्हादय...(संशोधन) – प्रा. प्रकाश पर्येकार
6. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य / ग्रंथ पुरस्कार**
   पोरसूं (बालसाहित्य) – श्री. विन्सी क्वाद्रूस
7. **गोंया भायल्या लेखकाक साहित्य पुरस्कार**
   शंखनाद (कविता) – डॉ. एल. सुनीताबाय, केरळ
8. **युवा चैतन्य पुरस्कार** – फा. लुईश गॉमिश
9. **युवा चैतन्य पुरस्कार** –श्रीमती अन्वेशा सिंगबाळ
10. **साहित्य प्रतिभा पुरस्कार** – श्री. महाबळेश्वर सैल
11. **साहित्य प्रज्ञा पुरस्कार** – श्री. सुरेश आमोणकार
12. **शणै गोंयबाब कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार**
    – श्री. माणिकराव गावणेकार
13. **माधव मंजुनाथ शानभाग कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार** – श्री. पावलू मोरास
14. **कोंकणी सेवा संस्था पुरस्कार** – केरळ कोंकणी अकादमी, केरळ

## 2014

1. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य/ग्रंथ पुरस्कार**
   निसण (कविता) – श्री. आर. रामनाथ

2. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य/ग्रंथ पुरस्कार**
   कपयाळें (कथा) – श्रीमती सुधा खरंगटे

3. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य/ग्रंथ पुरस्कार**
   टेन्शन फ्री (नाटक) – श्री. राजय पवार

4. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य/ग्रंथ पुरस्कार**
   तालगडी (निबंद) – श्री. संदेश प्रभूदेसाय

5. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य/ग्रंथ पुरस्कार**
   संवसारीक तत्वज्ञान (शास्त्रीय) डॉ. कमलादेवी कुंकळकार

6. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य/ग्रंथ पुरस्कार**
   रानवळख (बालसाहित्य) – श्री. दिनेश मणेरकार

7. **सर्वोत्कृश्ट कोंकणी साहित्य/ग्रंथ पुरस्कार**
   आजयेक वाचूंक शिकयलें आनी हेर
   काणयो (अणकार) – श्रीमती सुनेत्रा जोग

8. **गोंया भायल्या लेखकाक साहित्य पुरस्कार**
   विस्वास (कादंबरी ) – श्रीमती सूर्या अशोक

9. **युवा चैतन्य पुरस्कार** – श्री. नित्यानंद नायक

10. **युवा चैतन्य पुरस्कार** – श्रीमती सुचिता नार्वेकार

11. **साहित्य प्रतिभा पुरस्कार** – श्री. प्रकाश पाडगांवकार

12. **साहित्य प्रज्ञा पुरस्कार** – डॉ. माधवी सरदेसाय

13. **शणै गोंयबाब कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार**
– श्री. अरविंद भाटिकार

14. **माधव मंजुनाथ शानभाग कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार** – डॉ. कस्तूरी मोहन पै

15. **कोंकणी प्रसार माध्यम कला–कौशल्य पुरस्कार**
– श्री. फावुस्तो द कॉस्त

16. **कोंकणी सेवा संस्था पुरस्कार** – गोमन्त कला एसोसिएशन, मडगांव–गोंय

✦ ✦ ✦